-

**टिकात्मक खबरांक जाप दिवपाक जनसंपर्क अधिकाऱ्यांची भूमिका**

- **श्री प्रकाश नाईक**
माहिती अधिकारी

लोकशाय वेवस्थेत सत्ताधाऱ्यांकडल्यान लोकांच्यो अपेक्षां पूर्ण करपाखातीर सदाच नि:संकोचपणान प्रयत्न जातात. आपापल्या क्षेत्रात लोकांचे प्रतिनिधित्व करपी वेंचून आयिल्ले प्रतिनिधी लेगीत तांच्यो जबाबदाऱ्यों पाळपाचो प्रयत्न करतात आनी लोकांचो आत्मविश्वास आनी विश्वासार्हता मेळोवपाखातीर आनी ते प्रतिनिधित्त्व करपी प्रभाग / मतदारसंघाची उदरगत करपाखातीर अखंडपणान काम करतात.

विज्ञान आनी तंत्रज्ञानात नेटान प्रगती करून आनी खास करून डिजिटल माध्यमांवरवीं सरकारन राबयिल्ल्या कल्याणकारी येवजनणांचो फायदो समाजातल्या सगळ्यां  घटकांमेरेन पावोवपाखातीर सगळें तरेन प्रयत्न करपात येतात. एकेवटेन सरकार राज्याची प्रगती आनी विकासाखातीर प्रयत्न करीत आसा, जाल्यार दुसरेवटेन मुखेल  प्रवाहात म्हळ्यार प्रिंट, इलेक्ट्रॉनिक आनी समाजीक माध्यमांतल्यान  विकास कामांचेर टिका जाता. केन्ना केन्ना सत्य पळयनासतना मीडिया प्लॅटफॉर्मावयल्या माध्यमांनी खबरों / प्रक्षेपण / प्रसारण उजवाडाक येता.

विकासासंबंदीत असत्य बातम्यों  आनी हेर क्षेत्रांतल्यान जावपी टिकांक लागून  सर्वसामान्य लोकांमदी गैरसमज जाता आनी ताचो परिणाम म्हूण विकासाच्या कामांनी अडथळो निर्माण जावपाक शकता आनी निमाणे प्रगतीच्या वाडिक खंड पडपाक शकता. अशा वेळार पीआरओची भूमिका म्हत्वाची थारता.  टिकाकारांक योग्य जाप दिवन सत्य नदरेमुखार हाडप आनी   सरकाराची प्रतिमा राखप हे  पीआरओचे काम आसता.

सरकारी येवजणों, कार्यक्रम आनी धोरणांची म्हायती विंगड विंगड माध्यमांतल्यान जनतेमेरेन पावोवपाचे राज्य सरकारचो नोडल विभाग म्हुण काम करपी माहिती आनी प्रसिद्धी खात्यान हालीच पर्वरे

सचिवालयातल्या परिशद सभाघरात खास करून खातें प्रमुख, जनसंपर्क अधिकारी, कॅबिनेट मंत्र्यांचे विशेश अधिकाऱ्यांखातीर एक कार्यशाळा आयोजीत केल्ली. तांचे कर्तव्य आनी भुमिका, टिकेक जाप कशी दिवप आनी सरकाराची प्रतिमा वाडोवपाखातीर तत्परतेन काम करप हे विशीं मार्गदर्शन करपा खातीर ही कार्यशाळा आयोजीत केल्ली.

असत्य आनी चुकीच्या म्हायतीच्या आदाराचेर सरकाराचेर जावपी टिकेक योग्य जाप दिवन सरकाराची प्रतिमा सांबळपाखातीर संबंदीत विभागांच्या जनसंपर्क अधिकाऱ्यांनी आपल्या प्रमुखांकडेन सल्लामसलत करून खरी म्हायती जनतेमुखार हाडपाखातीर योग्य पावलां उबारपाक जाय. आनी त्या खातीर वेगवेगळ्यां माध्यमांचो उपेग करपाक जाय. खरे म्हळ्यार संस्थेची प्रतिशठा सांभाळपाची जबाबदारी पीआरओची आसता. तांणी पत्रकां काडप, प्रसार माध्यमांकडेन वेव्हार करप, प्रेस कॉन्फरन्स आयोजीत करप आनी पत्रकां काडपा वागडाच आपले ज्ञान वाडोवपाखातीर सतत यत्न करपाक जाय.

अशा म्हत्त्वाच्या विशयाचेर कार्यशाळा आयोजीत करून पीआरओक योग्य मार्गदर्शन आनी प्रशिक्षण दिवप खूप काळाची गरज आशिल्ली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कार्यशाळेत सहभागीं जावन अधिकाऱ्यांवांगडा संवाद साधलो. तांणी संबंदीत अधिकाऱ्यांक सत्य म्हायतीसयत सकारात्मकता निर्माण करपाखातीर योग्य नियोजनाचेर भर दिवपाक सांगले. खरे म्हळ्यार टिकेक रोखड्या रोखडी जाप दिवपाक जाय आनी त्याखातीर जनसंपर्क अधिकाऱ्यांनी सतत माध्यमांच्या संपर्कां रावपाची गरज आसा. गरज पडल्यार माध्यमांच्या प्रतिनिधीक आपल्या कार्यालयात आपोवन विभागाच्या सकारात्मक गजालींची म्हायती करून दिवपाक जाय. आमी सरकाराचे यश आनी प्रगतीचेर उजवाड घालपाची गरज आसा. सगळ्यां कल्याणकारी येवजनणांचो लाव लोकांच्या आनी खास करून ग्रामीण लोकांच्या दारामेरेन पावता की ना हे पळोवपाची गरज आसा. अशा कार्यातल्यान लोकांचो विस्वास वाडटलो आनी हे सरकार त्यांच्या हिताखातीर काम करता, हो संदेस लोकांमदी पावतलो. प्रिंट मीडिया खेरीत पीआरओन आकाशवाणी आनी दूरदर्शनचोय

चडांत चड वापर करून  राज्यभरातले असंख्य श्रोते आनी प्रेक्षकांक सरकाराच्या कामाची म्हायती दिवपाक जाय.  सोपेपणी उपलब्ध आशिल्ल्या खंयच्याय साधनांचो उपेग करून सरकाराची योग्य आनी सकारात्मक प्रतिमा मुखार हाडपाक जाय.  गरज पडल्यार माहिती आनी प्रसिद्धी विभाग आनी मुख्यमंत्री कार्यालयाकडल्यान  पीआरओकडेन समन्वय करपात येतलो आनी त्या खातीर पीआरओनी कार्यक्रमांचे नियोजन करप आऩी  माध्यमांक म्हायती दिवप गरजेचे आसा.

माध्यमांक लोकशाहीचो चौथो आधारस्तंभ मानतात. पत्रकार हे समाजाचे डोळे आनी कान मानतात. पीआरओनी ही गजाल लक्षात घेवन माहिती युगातली नवीन म्हायती आनी तंत्रज्ञान जाणून घेवन आपल्या ज्ञानात भर घालपाक जाय तशेंच तांणी  सोशल मीडियाचो प्रभावीपणान वापर करपाक शिकपाक जाय. जनतेच्या दृष्टीन शासनाची सकारात्मक प्रतिमा निर्माण करप अत्यावश्यक जाल्ले आसा. त्या खातीर  नव्या ताकदीन आऩी समर्पितपणान काम करपाची गरज आसा आनी तेन्नाच  सरकारच्या प्रयत्नांक यश येतले आनी जनतेक ताचो फायदो जातलो.

त्या खातीर अधिकाऱ्यांनी चडांत चड आधुनिक तंत्रज्ञान आनी माध्यमांचो उपेग करपाक जाय.  वेगवेगळ्या माध्यमांतल्यान जावपी टिकेक कळाव लायनासतना  वेळार जाप दिवप वा स्पशटीकरण दिवप म्हत्वाचे आसा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/611

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji